राष्ट्रीय खबरो

१९.०६.२०२५ @ ८.४० am

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपली इतिहासीक आनी पयलेच खेपेची  क्रोएशियाची अधिकृत भेटीत देशांनी चार समजी कायेच्या कबलातीचेर सय केल्या

इराण आणि इस्रायलामदी सुरू आशिल्या संघर्षान इबाडलेली परिस्थिती लक्षात घेत, भारतान इराणातल्यान भारतीय नागरिकांक भायर काढपाक ऑपरेशन सिंधू सुरू केला

सरकार या वर्सा १५ ऑगस्टपासून तीन हजार रुपयांचो फास्टॅग-आधारित वर्सुकी पास सुरू करता

सुरेश एरियट यांच्या 'देसी ऊन' या एनिमेशन चित्रपटान फ्रान्सतल्या एनेसी इंटरनॅशनल अनिमेशन फेस्टिव्हल २०२५ त सर्वोत्कृष्ट कमिशन्ड फिल्म खातीर ज्युरी पुरस्कार जिकला

मलेशियांत  आशियाई स्क्वॅश चॅम्पियनशिपांत  जपानाच्या टोमोटाका एंडोचेर 3-0 अशी जैत मेळोवन भारताचो वेलावन सैंथिलकुमारान उपांत्यपूर्व फेरयेत प्रवेश केलो

मोदी 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपली इतिहासीक आनी पयलेच खेपेची  क्रोएशियाची अधिकृत भेट सोंपयल्या आनी ते परतुपाचे वाटेर आसात. उच्चस्तरीय बसकांनी भरिल्ले हे भेटींतल्यान भारत-क्रोएशियाचे संबंद लक्षणीय वाडले आनी फुडाराच्या धोरणात्मक  सहकार्याची बुन्याद घाली.मध्य आनी आग्नेय युरोपीय देशांतल्या एका दिसाच्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी हांणी क्रोएशियाचे  प्रधानमंत्री आंद्रेज प्लेनकोविच हांचे कडेन बांस्की ड्वोरी हांगा प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर व्यापक उलोवणी केली. जागतीक शांतताय, लोकशाय मुल्यां आनी वेपार, तंत्रगिन्यान आनी संस्कृतायेंतल्या वाडट्या सहकार्याचेर सामायिक वचनबद्धताय हांचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी संयुक्त पत्रकार विधान निवेदन जारी करून भर दिलो. युरोपांत आसूं वा आशियां आसूं, झुजाच्या मैदानाचेर उपाय मेळूंक शकना अशें सांगून मोदी हांणी संघर्श शांततायेन सोडोवपाचो खर समर्थन केले. संवाद आनी मुत्सद्देगिरी हो एकूच कार्यक्षम मार्ग अशें तांणी सांगलें. संबंद घटमूट करपाचे दिकेन व्हड पवउल म्हण दोनूय देशांनी चार समजी कायेच्या कबलातीचेर सय केल्या. दुसरे म्हत्वाचे कार्यावळींत प्रधानमंत्री मोदी हांणी क्रोएशियाचे अध्यक्ष झोरन मिलानोविच हांचे कडेन वेगळीं बसका घेतलीं. दोनूय फुडाऱ्यांनी सौहार्दपूर्ण आनी दूरदर्शी उलोवणी करून द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाक आपल्या सामायिक दृष्टिकोनाचो पुनरुच्चार केला.

सिंधु 130

इराण आणि इस्रायलामदी सुरू आशिल्या संघर्षान इबाडलेली परिस्थिती लक्षात घेत, भारतान इराणातल्यान भारतीय नागरिकांक भायर काढपाक ऑपरेशन सिंधू सुरू केला. पयले पाऊल म्हणून, तेहरानातल्या भारतीय दूतावासान काल उत्तर इराणातल्यान ११० भारतीय विद्यार्थ्यांक सुरक्षितपणान आर्मेनियात पावपाक मदत केली. इराण आणि आर्मेनियातल्या भारतीय दूतावासांच्या देखरेखीखाला हे विद्यार्थी रस्त्या वट्या आर्मेनियाची राजधानी येरेव नाक गेले. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की हे विद्यार्थी दनपारा एका विशेष विमानान येरेवन सावन भायर सरले आणि ऑपरेशन सिंधूच्या सुरुवातीच्या पांवड्याचो भाग म्हणून नवी दिल्लीत पावतले. मंत्रालयान म्हणला की, निर्वासन प्रक्रियेच्या सुरळीत सोयी खातीर भारत सरकार इराण आणि आर्मेनिया सरकारचे आभारी आसा. भारत परदेशातलया भारतीय

नागरिकांच्या सुरक्षिततेक सर्वोच्च प्राधान्य दिता. चालू आशिल्या मोहिमचो एक भाग म्हणून, इराणतलो भारतीय दूतावास व्हडा संख्येन भारतीय नागरिकांक वाढत्या धोक्याच्या झोनातल्यान देशातल्या त्या तुलनेन सुरक्षित भागात व्हरता आणि त्या उपरांत उपलब्ध आणि व्यवहार्य पर्यायांचो वापर करून तांका भायर काढपाक मदत करता

फास्ट टेग 150

सरकार या वर्सा १५ ऑगस्टपासून तीन हजार रुपयांचो फास्टॅग-आधारित वर्सुकी पास सुरू करता ज्याका लागुन देशभरातल्या राष्ट्रीय महामार्गार  सहज आणि किफायतशीर प्रवास करपाक मेळटलो. हो वर्सुकी पास सक्रिय झाल्यापासून एक वर्षा खातीर वा २०० फेऱ्यांमेरेन आसतलो. हो पास फक्त  कार, जीप आणि व्हॅनसारख्या गैर-व्यावसायिक खाजगी वाहनां खातीर डिझाइन केला. सोशल मीडिया पोस्टमध्ये, रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी यांनी ही घोषणा केली आणि सांगले की हे पाऊल त्रासमुक्त महामार्ग प्रवासाच्या दिशेन एक परिवर्तनकारी पाऊल आसतले. त्यांनी मुखार सांगले की, सक्रियकरण आणि नूतनीकरणा खातीर एक समर्पित रोखडेच राजमार्ग यात्रा ॲपचेर तशेच भारतीय राष्ट्रीय महामार्ग प्राधिकरण आणि रस्ते, येरादारी आणि महामार्ग मंत्रालयाच्या अधिकृत वेबसाइटर उपलब्ध करतले. मंत्र्यांन सांगले की हे धोरण ६० किलोमीटरच्या श्रेणीतल्या टोल प्लाझांबद्दलची दीर्घकालीन चिंता पयस करता आणि एकाच, परवडपी व्यवहारा वरवी टोल पेमेंट सुलभ करता. गडकरी हाणी  म्हणले की, प्रतीक्षा वेळ कमी करून, गर्दी कमी करून आणि टोल प्लाझावेलो वाद कमी करून, वरसूकी पास लाखांनी खाजगी वाहन मालकांना जलद आणि सुरळीत प्रवास अनुभव दिवपाचे उद्दिष्ट बाळगीता. Byte

गडकरी 75

रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी नवी दिल्लीत रस्ते अपघातातल्या बळींक रोख रकमेचो उपचार दिवपाक देशव्यापी योजनेच्या अंमलबजावणीबाबत  उच्चस्तरीय बसकेचे यजमानपण केले. बसकेत, रस्ते सुरक्षेक प्रोत्साहन दिवपाक तळागाळातल्या प्रयत्नांचे त्यांनी कौतुक केले. देशभरात रस्ते अपघातात मरणाचे प्रमाण कमी करपाची तातडीची गरज त्यांनी अधोरेखित केली.गडकरी हाणी म्हणले की, रस्ते अपघातांक आळा घालप हे केंद्र सरकारचे प्रमुख प्राधान्य आसा सगळ्या राज्यांनी रोख रकमेचो वापर सुलभ आणि प्रमाणित पद्धतीन करतले हाची खात्री करपाक मंत्र्यांनी भागधारकांमदी समन्वय साधपाचेर भर दिला.

गावडे 45

गोयचे राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिलय हांणी कला आणि संस्कृति खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हाका मंत्री पदा वेल्यान काडून उडोवपाची मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी केली शिफारस स्वीकारल्या अशी अधिसुचोवणी अवर सचिव श्रेयस डिसिल्वा हाणी जारी केल्या. काल राती हे विशी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी माहिती दिल्ली.

एनेसी 160

चित्रपट निर्माते सुरेश एरियट यांच्या 'देसी ऊन' या एनिमेशन चित्रपटान फ्रान्सतल्या एनेसी इंटरनॅशनल ॲनिमेशन फेस्टिव्हल २०२५ त सर्वोत्कृष्ट कमिशन्ड फिल्म खातीर ज्युरी पुरस्कार जिंकून भारतीय ॲनिमेशनाक आंतरराष्ट्रीय स्तरार कौतुक मेळोवन दिला. या चित्रपटाक हालीच मुंबईत जाल्या वर्ल्ड ऑडिओ, व्हिडिओ आणि एंटरटेनमेंट समिट -वेव्हज २०२५ त सर्वोत्कृष्ट चित्रपटाचो किताब मेळिल्लो. 'वेव्हज' हो क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज अंतर्गत भारतातल्या आघाडीच्या ॲनिमेशन आणि डिझाइन ओळख प्लॅटफॉर्म. ॲनेसी सन्माना व्यतिरिक्त, या चित्रपटाक कान्स लायन्स २०२५ त फिल्म क्राफ्ट लायन्स श्रेणीत लेगीत वेचला  ज्याका लागुन भारताच्या ॲनिमेशन उद्योगा खातीर ही एक महत्त्वाची कामगिरी थारल्या. आकाशवाणी न्यूजकडे उलयताना ॲनिमेशन चित्रपटाचे दिग्दर्शक सुरेश एरियट हाणी म्हणले की, 'वेव्हज-२०२५' जिंकील्यान 'क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज'च्या पुराय चळवळीक प्रेरणा मेळली. 'वेव्हज २०२५' चो भाग म्हणून माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सुरू केले 'क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज' हे भारताच्या सर्जनशील प्रतिभेक वळखुपाक आणि जागतिक स्तरार उंचावपाक एक परिवर्तनकारी व्यासपीठ म्हणून उदेला. त्यांच्या उल्लेखनीय यशोगाथांपैकी एक, देसी ओन, ज्याका ॲनिमेशन खातीर जगातले  सगळ्यात प्रतिष्ठित व्यासपीठ म्हणून वळखतात. हो दुर्मिळ आणि स्मरकीय विजय भारतीय ॲनिमेशनाक जगाच्या नकाशार सुवात दिता

झुज 90

इझ्राएलाच्या लश्करान इराणाचेर तीन वेळा हवाई हल्लो केल्यात आनी इराणी अधिकाऱ्यांनी सततच्या बॉम्बस्फोटात मरण आयिल्ल्याची संख्या वाडत आसा अशें सांगलां. झुज सुरू जाले उपरांत उण्यांत उणे 585 लोकांक मरण आयलां आनी 1300 परस चड जखमी जाल्यात, तातूंतले जायते नागरीक आसात असो इराणी अधिकारी आनी मानवाधिकार गटांचो अदमास आसा.अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणान ‘बिनशर्त शरण येवपाची’ मागणी करून आनी ह्या वाठारांत लश्करी तैनाती वाडोवपाची मागणी करून अमेरिकेचो सहभाग नाटकीयरित्या वाडयला. चीन, पाकिस्तान आनी रशियेच्या आदारान इराणाच्या विनंती प्रमाण फाल्यां न्यूयॉर्कांत संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ इराणा विशीं आपत्कालीन बसका घेवपाची आसा

चितंपल्ली 35

नामनेचे पर्यावरणवादी, वन्यजीव तज्ञ आनी पद्मश्री पुरस्कार विजेते  मारुति चितंपल्ली, जाका ‘अरण्य ऋषी’ ह्या नांवान वळखताले, तांकां पिरायेच्या 93 व्या वर्सा महाराष्ट्रांतल्या सोलापूरांत वयोमाना संबंदीत दुयेंसांक लागून मरण आयलें. रानां, वन्यजीव आनी संवर्धन साहित्याक ताणी आपलें जिवीत ओंपलें.

स्क्वॅश 65

मलेशियांत आशियाई स्क्वॅश चॅम्पियनशिपांत काल रातीं कुचिंगांत जपानाच्या टोमोटाका एंडोचेर 3-0 अशी जैत मेळोवन भारताचो वेलावन सेंथिलकुमारान उपांत्यपूर्व फेरयेत प्रवेश केलो. संवसारांत 45व्या क्रमांकाचेर आशिल्लो सेंथिलकुमार आतां सर्तीतलो एकमेव भारतीय खेळगडो जाला, ताणें फाटल्या फेरयेंत चीनाच्या ली हैझेनाक हारयलो. सुरवातीच्या फेरयेंत सूरज चंद, आकांक्षा साळुंखे  आनी शमीना रियाज भायर पडली, जाल्यार अनाहत सिंग एकोडी सर्तीत वांटो घेना पूण फुडल्या सप्तकांत जावपी आशियाई दोटटी स्क्वॅश चॅम्पियनशिपांत वांटो घेतलो.

हॉकी 50

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप 2025 ची पयली मॅच काल चेन्नयांत सुरू जाली. बायलांच्या सर्तींत हॉकी कर्नाटकान हॉकी केरळक 7-0 अशी हार घाली जाल्यार हॉकी महाराष्ट्रान 5-0 अशे जैत मेळोवचे हॉकी हिमाचलाचेर हार घाली. दादल्यांच्या विभागांत हॉकी पंजाबान ले पुडुचेरी हॉकीचेर 3-2 आनी तमिळनाडूच्या हॉकी युनिटान केरळ हॉकीचेर 8-0 अशी मात केली.

IMD 90

मेघालय, गंगीय पश्चिम बंगाल, झारखंड आनी ओडिशा हांगा आयज काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय हवामान खात्यान दीला. बिहार, छत्तीसगढ, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, कोंकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी ईशान्य राज्यांनीय फुडल्या 2-3 दिसांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनीय आयज गडगडपाची शक्यताय आसा असो अदमास आयएमडीन दीला. मजगतीं, काल सांजवेळा दिल्ली-एनसीआरत पावस पडून उमाशेच्या खर उश्णतेंतल्यान थाकाय मेळ्ळी. राष्ट्रीय राजधानी आनी लागसारच्या एनसीआर वाठारांत शेनवारा मेरेन हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या पांच दिसां खातीर ह्या वाठारांत मध्यम पावस आनी गडगडाटी वादळाची शिटकावणी आयएमडीन दिल्या.